# राज्यपाला हस्तूकी 108 रूग्णवाहिकांचे उक्तावण

ता. 11 जुलय 2018
20 आषाढ 1940

राज्यपाल डॉ.(श्रीमती)मृदुला सिन्हा हांणी आयज राजभवनार कार्डियाक दुयेंती, नवीन जल्माक आयिल्ली भुरगी आनी लसीकरण सेवा रूग्णवाहिकांचे उक्तावण केले. भलायकीमंत्री श्री. विश्वजीत राणे हया वेळार हजर आशिल्ले.

उक्तावणाउपरांत राज्यपाल आनी भलायकी मंत्र्यान रूग्णवाहिकांतल्यो वैजकीय सेवा आनी सुविधांची पळोवणी केली.

हया वेळार उलयताना राज्यपालान अशा तरेची ही सेवा देशातल्या खंयच्याय राज्यामदली उत्कृश्ट आनी दर्जेदार सेवा आशिल्ल्याचे सांगून गोंयकारांक हया सेवेचो बरो लाव जातलो, अशें म्हणले.

काळजासंबंदीत दुयेंतीक तत्काळ सेवा उपलब्ध करपाखातीर नव्या पाच आधुनिक सुविधा आशिल्ल्या रूग्णवाहिकांचे आयज उक्तावण जाला आनी हयो रूग्णवाहिका जीएमसी बांबोळे, मडगाव, फोंडे, म्हापशे आनी काणकोणच्या हॉस्पिटलाखातीर उपलब्ध करतले. हया रूग्णवाहिकांचेर नियुक्त केल्ल्या डॉक्टरांक दुयेंतीची भलायकी थीर करून लागीच्या जिल्हो हॉस्पिटलात वा जीएमसीत व्हरपाचे प्रशिक्षण दितले.

नवजात भुरग्यांखातीर सुरू केल्ल्यो दोन रूग्णवाहिका जिल्हा पातळीचेर उपलब्ध आसतल्यो. तशेंच लसीकरण सेवेखातीर सुरू केल्ली रूग्णवावहिका फोंडेचे आयडी हॉस्पिटल, म्हापशेंचे जिल्हो हॉस्पिटल आनी जीएमसी प्रकल्पात उपलब्ध आसतली.

कार्डियाक विभागाचे मुखेली डॉ. गुरूप्रसाद नाईक हांणी राज्यपालाक काळजासंबंदीत दुयेंसाच्या उपचाराखातीर रूग्णवाहिकांनी आशिल्ल्या वैजकीय सुविधांची माहिती करून दिली.

राज्यपालाचे घरकार डॉ. रामकृपाल सिन्हा, भलायकी सेवा संचालक डॉ. संजीव दळवी, डॉ. राजनंदा देसाई आनी हेर अधिकारी हयावेळार हजर आशिल्ले.